<u>मुखेल खबरो</u>

- पेंटेअर वॉटर इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेड उद्देगान आयज मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत गोंय सरकाराक सीएसआर उपक्रमां खाला 2.18 कोटी रूपयांचो धनादेश दिलो
- नवी दिल्लीत सत्ते 2026ह्या ट्रॅवल प्रदर्शनात गोंय पर्यटन पव्हेलियन स्टॉलाचे उक्तावण केंद्रीय पर्यटन मंत्री गजेंद्रसिंग शेखावत हांचे हस्तुकी जाले.
- शिरगांवचे लयराई देवीचे जात्रेंत भावीक तशेंच लोकांची सुरक्षा आनी गर्दीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर उपाययेवजण्यो तशेंच गर्दी वेवस्थापनाचो आराखडो सादर करपाचे निर्देश मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय फाट्यान सरकाराक दिल्यात
- 8 मार्च 2026 दिसा जावपी ग्रामपंचायत पोटवेंचणूकेखातीर सरकारान ग्रामपंचायत प्रभाग पोटवेंचणूक वार्डांतल्या मतदार कामगारांक भरपगारी सुटी जाहीर केल्या.

पेंटेअर वॉटर इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेड उद्देगान आयज मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत पर्वरी मंत्रालयांत गोंय सरकाराक सीएसआर उपक्रमां खाला 2.18 कोटी रूपयांचो धनादेश दिलो . गोंय सीएसआर प्राधिकरणाच्या समन्वयान राज्यांत विकास प्रकल्प आनी समाज कल्याणकारी उपक्रमांक योगदान म्हूण कंपनीन ही रक्कम सरकाराक दिल्या.

1996 सावन वेर्णा उद्देगीक वसणूकेंत कार्यरत आशिल्ल्या पेंटेअर वॉटर इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेड कंपनीन गोंयच्या समाजीक विकासाच्या उपक्रमांक सातत्यान योगदान दिला. सध्याची सीएसआर मजत शाश्वत विकास आनी गावगीर्या लोकांच्या उदरगतीच्या यत्नांक आदार दिवपाच्या हेतन दिल्या.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, "सीएसआर ही फकत एक वैधानिक जापसालदारकी न्हय जाल्यात ती एक मजबूत आनी समावेशक समाज निर्माण करपा खातीरची सामूहिक वचनबद्धता आसा. जेन्ना उद्देग आनी सरकार पारदर्शकता आनी जापसालदारकेन एकवटान काम करतात तेन्ना गावगीर्या

प्रभावी, समावेशक आनी शाश्वत जाता". राज्यातल्या समाजीक विकासाक मजत करून सामुदायिक पायाभूत सुविधा वाडोवपाक आनी कल्याणकारी उपाय येवजणांक आदार दिवपाक सीएसआर योगदानाची मजत जातली, अशें तांणी सांगलें.

नवी दिल्लीत सत्ते 2026ह्या ट्रॅवल प्रदर्शनात गोंय पर्यटन पव्हेलियन स्टॉलाचे उक्तावण केंद्रीय पर्यटन मंत्री गजेंद्रसिंग शेखावत हांचे हस्तुकी जाले. ह्या भेटी वेळार मानादीक मंत्री गजेंद्रसिंग शेखावत हांणी गोंय पर्यटन दालनाक भेट दीली आनी राज्याचें प्रतिनिधित्व करपी अधिकृत शिश्टमंडळा कडेन गोंय पर्यटनावीशी संवाद सादलो . हे वेळार साहाय्यक पर्यटन संचालक जयेश काणकोणकार, उपसरवेवस्थापन दीपक नार्वेकार, पर्यटन अधिकारी चित्रा वेंगुर्लेकार आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले. ह्या स्टॉलाचेर गोंयचे पर्यटन तशेच संस्कृतायेची झलक पळोवपाक मेळटा. राष्ट्रीय मळार गोंयचे पर्यटन वाडोवपाच्या हेतान सत्ते 2026मदी गोंय पव्हेलियन स्थापन जालां
ह्यावेळार गोय पर्यटन खात्यावतीन गोंयची उदरगत करपी पर्यटन दृश्टी, रणनिती उपक्रम आनी पर्यटनाच्या फुडारावीशीच्या दीशेन चलील्ल्या कामाचो नियाळ मंत्री शेखावत हांचे मुखार मांडलो. ह्या वेळार उलयतना जयेश काणकोणकार, हांणी म्हणलें की " देशी आनी आंतरराष्ट्रीय भागधारकां कडेन संबंदीत रावपा खातीर हो एक म्हत्वाचो मंच आसा गोंयचो सहभाग अंदू पुनरुज्जीवन पर्यटनाचेर आमची वचनबद्धताय घटमूट करपाचेर आनी राज्याक एक समग्र, वर्सभर गंतव्य म्हूण स्थापन करपाचेर केंद्रीत आसा. पयल्याच दिसा व्हड प्रतिसाद मेलला ह्या स्टॉलान गोंयच्या विंगड विंगड पर्यटन दृश्टीकोनाचो दृश्टीन आकर्शक पॅनोरमा सादर केलो, तातूंत सर्जनशील वाठारांचो अणभव आनी राज्याच्या दर्यादिगे भायर विकसीत जावपी आकर्शणाचें प्रतिबिंबीत करपी हेर वाठार हांचे वांगडाच प्रतिकात्मक स्थळचिन्न दाखयली.

अंदू २१ एप्रिलाक शिरगांवची वर्सुकी जात्रा जातली. हे फांटभुयेंर शिरगांवचे लयराई देवीचे जात्रेंत भावीक तशेंच लोकांची सुरक्षा तशेंच गर्दीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर उपाययेवजण्यो तशेंच गर्दी वेवस्थापनाचो आराखडो सादर करपाचे निर्देश मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय फाट्यान सरकाराक दिला .हो आराखडो सप्तका भितर सरकाराक सादर करचो पडटलो. इतलेमजगती शिरगांव जात्रे वेळार अपघात वा दुर्घटणा जावची न्हय म्हूण फावो ते उपाय येवजण्यो सरकारान घेतल्या. आपत्ती वेवस्थापन तशेंच सुरक्षेविशीं उपाययेवजण्यो करपी

कामां सुरू आसा, अशें सुनावणे वेळार एडव्होकेट जनरल देवीदास पांगम हांणी सरकारची बाजू मांडटना सांगला.

पोरु शिरगांवचे जात्रेंत खेटाखेट जावन ६ भाविकांक मरण आयिल्लें, जाल्यार ८० परस चड लोक जखमी जाल्ले. हे भिरांकूळ घडणुके उपरांत सरकारान चवकशी समिती स्थापन केली. चवकशी समितीन अहवाल सादर केला. गर्दीचो वेवस्थापन आराखडो सरकाराक ६ मार्च मेरेन सादर करचो पडटलो. हे याचिकेचेर फुडली सुनावणी १० मार्चाक जातली.

भारतीय लश्कर भरती नोंदणी प्रक्रिया १३ फेब्रुवारी सावन सुरू जाल्या आनी ती ११ एप्रील मेरेन चालू उरतली. ही भरती लश्कराच्या खाला अग्निवीर जनरल ड्यूटी, अग्निवीर तंत्रीक, अग्निवीर क्लर्क/स्टोरकीपर तंत्रीक अग्निवीर वेपारी (8 वी आनी 10 वी पास) ह्या पदां खातीर जातली. इत्सूक उमेदवारांनी दिल्ल्या काळा भितर www.joinindianarmy.nic.in ह्या संकेतथळार ऑनलायन अर्ज करूं येता

चांदेल-हंसापूर ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, मांद्रे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-4, पिळगांव ग्रामपंचायतीचो वार्ड-7, लाटंबार्से ग्रामपंचायतीचो वार्ड-3, पिळर्ण-मार्णा ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, सिरसय ग्रामपंचायतीचो वार्ड-6, साल्वादोर द मुंद ग्रामपंचायतीचो वार्ड-2, कांदोळी ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, आके-बायश ग्रामपंचायतीचो वार्ड-6, बोरी ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, वेलिंग-प्रियोळ ग्रामपंचायतीचो वार्ड-3, भोमा-अडकोणा ग्रामपंचायतीचो वार्ड-3, बाळ्ळी-अडणे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-8 आनी लोलये-पोळे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-8 खातीर 8 मार्च 2026 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून सरकारान पोटवेंचणूक जावपी ग्रामपंचायत वार्डांतले मतदार आशिल्ले उद्देगीक कामगांर, सरकारी खातीं आनी उद्देगांनी दिसवड्याचेर काम करपी, खाजगी वेपारी आस्थापनांनी काम करपी आनी हेर खाजगी आस्थापनांनी काम करपी सगळयां कामगारांखातीर मतदानाच्या दिसा आयतार 8 मार्च 2026 दिसा भरपगारी सुटी जाहीर केल्या.

नगर नियोजन कायद्याच्या कलम ३९ (अ) आड उपोशणाक बशिल्ले सांत आंद्रेचे आमदार विरेश बोरकार आनी हेर आंदोलकांआड पणजे पुलीसीन कागाळ नोंद जाले उपरांत गुन्याव नोंद केला.

कलम ३९ (अ) रद्द करप तशेंच मारपेट केल्ल्या पुलिसांक निलंबीत करपाची मागणी करपी विरेश बोरकार हांचें आंदोलन सुरूच आसा. तांची भलायकी इबाडल्या.
नगर नियोजन कचेरी भितर बसून आंदोलन करप आनी हें आंदोलना वेळार महत्वाचो फायली गायब जाल्ल्या प्रकरणांत पणजे पुलिसांनी आमदार विरेश बोरकार आनी थळाव्यां आड एफआयर नोंद केला.

मजगती विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाओ, आमदार वेंजी व्हिएगास आनी हेरांच्या फुडारपणा खाला विरोधी आमदारांनी गोंयच्या राज्यपालाची भेट घेउन 39 ए प्रश्नाचेर खाशेलें विधानसभा अधिवेशन आपोवपाची मागणी केली.

गोंय पर्यटन खात्यान राज्यात जावपी शिगमो मिरवणुकेच्यो तारख्यो जाहीर केल्यात. मेळील्ल्या म्हायतीप्रमाण फोण्या 5 मार्चाक, कलंगुट 6 , पणजी 7 म्हापसा 8,, कुडचडे 9 दीवचल 10 ,साखळी 11,शिरोडा आनी सांगे 12 धारबांदोडा आनी कुंकळ्ळयो 13,मडगांवा 14,वास्को आनी पर्वरे 15,वाळपय 16, पेडणे आनी केपे 17,मांद्रे आनी काणकोण 18 मार्चाक शिगम्याची मिरवणुक जातली.
शिगम्याच्या ह्या मिरवणुकेत वार्शिक परंपरेप्रमाण रोमटामेळ, पौरिणिक काणयेचेर आधारीत चित्ररथ, ढोल ताश्याचे पथक, तशेंच गोंयची संस्कृतायेचे दर्शन जाता. इतलेमजगती गोंय सध्या शिगम्याच्या माहोलात रंगपाक लागला. वेगवेगळया वाठारात शिगम्याच्या संकल्पनचेर आधारीत देखावे गोंयकारांक पळोवपाक मेळटा. जाल्यार गावांगावांनी परंपरेप्रमाण नाल दवरून शिगम्याची विधीवत पारंपरीक धार्मिक विधी सूरू जाला. जाल्यार रोमटामेळ ,ढोल ताश्याच्या तालमीन रातीक नेट धल्ला.

मजगती म्हापसा शिगमोत्सव मंडळाचो शिगमो ओंदू ५ ते ८ मार्च मजगती जातलो अशी म्हायती मंडळाचे कार्याध्यक्ष गुरुदास नाटेकार हांणी दिल्या. ८ मार्च दिसा रोमटामेळ , आनी लोकनाच मिरवणूक जातली. हो शिगमोत्सव पर्यटन खातें आनी स्वराज्य गोमंतक संस्थेच्या पालवान जातलो अशीय म्हायती श्री. नाटेकार हांणी दिली. ह्या शिगमोत्सवाक साडे धा लाख रुपयांची इनामां दवरल्यात अशी म्हायती आयोजकांनी दिली. काल सावन सर्तक संघाखातीर प्रवेशिका उपलब्ध केल्यात अशी म्हायती नाटेकार हांणी दिली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३.6 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१औंश  सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.6 औंश  सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

बीपीएस ओपन टेनिस सर्तींत १८ वर्सा सक्यल्या चलयांचें एकोट्या गटात त्विशा सरदेसाय जाल्यार चल्यांच्या एकोट्या गटातच्या  सर्तींत एथन अताईद हाणी वास्ताद्पण जिखलें. मडगांवच्या बीपीएस स्पोट्र्स क्लब संकुलांत जाल्यो निमाण्य खेळात त्विशाणन उर्वी पानंडीकराक 4-1, 4-3 अशा सेटांनी हारयले  जाल्यार एथन हाणे कियान मावनीचेर 2-4, 4-3, 10-4 अशे  जैत मेळयलें.